भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी



# पवित्र सबेक मेळटा त्रास

बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

देवाचो पूत जेजू मेल्ल्यांतल्यान जिवंत जाले उपरांत पन्नास दिसांनी पवित्र आत्मो आपल्या अनुयायां भितर जियेवंक आयलो. देव बाप, देव पूत (जेजू) आनी देव पवित्र आत्मो सगळे एक देव कशे जावंक शकतात हें शिश्यांक समजलें ना तरी, देव आपल्या वांगडा आशिल्ल्यान तांकां खोशी जाली. जेजू विशीं प्रेषितांक हेरांक सांगपाक देवान अद्भुत कामां केलीं.



जेजूचेर विस्वास दवरपी लोकांनी आपले कडेन आशिल्लें सगळें वांटून घेतलें, जाका लागून गरीबांची जतनाय घेतली. पूण अननिया आनी सफीरा नांवाचें एक जोडपें बेईमान जालें. तांणी थोडी जमीन विकली आनी सगळे पयशे प्रेषितांक हाडपाचें नाटक केलें. गुप्तपणान तांणी कांय फाटीं स्वता खातीर दवरले.



“पवित्र आत्म्याक फट उलोवपाक सैतानान तुजें काळीज कित्याक भरलां ...?”

पेद्रून अननियाक विचारलें. “तुमी मनशांक फट उलयली ना पूण देवा कडेन फट उलयल्या.” मागीर अननियान पडून निमाणो स्वास घेतलो. तरणाट्यांनी ताका गुठलायलो, भायर व्हरून पुरलो.



थोड्याच काळा उपरांत सफीरा भितर आयली, घोव मेलो हें कळनासतना. तिणें पयशांचेरय फट उलयली – आनी तिकाय अशें घडलें. ह्यो गजाली आयकल्ल्या सगळयांक व्हड भंय आयली.



देवान पवित्र आत्म्यान
प्रेषितां वरवीं जायतीं
चिन्नां आनी
अजापां केलीं.
देखीक, पेद्रूची
सावळी पडली तेन्ना
दुयेंत लोक बरे जाले.



तो व्हड चमत्कारांचो काळ आशिल्लो, देवाचें सान्निध्य दाखोवपी. चडांत चड लोक जेजूचेर विस्वास दवरताले. ताका लागून मुखेल याजकाक खूब राग आयलो. ताणें प्रेषितांक



बंदखणींत घाले!



पूण रातच्या
वेळार प्रभूच्या एका
देवदूतान बंदखणीचीं
दारां उगडून तांकां
भायर काडलीं
आनी म्हणलें, “जा,
देवळांत उबो राव
आनी लोकांक ह्या जिविताचीं सगळीं उतरां सांग.” प्रेषितांनी
भायर सरून जेजू विशीं प्रचार करपाक सुरवात केली.
सकाळीं महा याजकाच्या मनशांक बंदखण रिती दिसली.

निमाणे तांकां मेळ्ळे तेन्ना मुखेल याजकान प्रेषितांक धिटाय दिली. “ह्या नांवान शिकवंक नाका म्हण आमी खर आज्ञा दिवंक ना?” “आमी मनशां परस देवाचें आदन्या पाळूंक जाय” अशें पेद्रू आनी हेर प्रेषितांनी जाप दिली. मुखेल याजक इतलो रागान भरिल्लो की ताका प्रेषितांक मारून उडोवपाची इत्सा जाली. ताचे बदला ताणें तांकां मारून सोडपाचो आदेश दिलो. वेदना आसून लेगीत प्रेषितांनी देवाचीं आदन्या पाळ्ळी आनी जेजू



एक दीस स्टीफन नांवाच्या मनशाक अटक केलो. स्टीफन प्रभू जेजूचो मोग करतालो. पवित्र आत्मो हेरांक जेजू विशीं सांगपाक ताका वापर करूंक लागलो. स्टीफन देवा आड उलयता अशें सांगून कांय जाणांनी फट उलयली. एक फकाणां खटल्या उपरांत जेजूचेर आशिल्ल्या भावार्थाक लागून स्टीफनाक फातरांनी मारून उडयलो.



मरणा आदीं पवित्र आत्म्यान भरिल्लो स्टीफन सर्गार पळयलो आनी देवाची महिमा आनी जेजू देवाच्या उजव्या हातांत उबो आशिल्लो पळेलो. स्टीफनाक लोकांनी फातर मारलो जशें तो देवा कडेन उलो मारतालो आनी म्हणटालो, “प्रभु जेजू, म्हजो आत्मो घे”.



मागीर खुसार जेजू
सारकोच हो
धाडसी मनीस
आपल्या मरतल्या
स्वासाचो वापर
करून देवान
आपल्या खून
करप्यांक माफ
करचो अशें
मागणें केलें.



स्टीफनाच्या मरणान त्रासाची नवी ल्हार सुरू जाली. स्टीफनाच्या खून करप्यांक आदार केल्ल्या सावल नांवाच्या तरणाट्यान ताका मेळिल्ल्या दर एका क्रिस्तांवाक धरलो. तातूंतले जायते जाण आपल्या घरांतल्यान पळून गेले आनी जुदेया आनी सामरियांत शिंपडले. जेरुसलेमांत फकत प्रेषित रावले.



तांच्या दुस्मानांनी तांकां मारपाचो यतन केलो तरी शिंपडून गेल्ले जेजू विशीं बरी खबर प्रचार करपाक सगळेकडेन गेले. जेजूच्या अनुयायांक कांयच आडावंक शकलें ना – कारण देवाचो पवित्र आत्मो तांचे भितर रावतालो आनी तांचे वरवीं काम करतालो.



# पवित्र सबेक मेळटा त्रास

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

प्रेरितांचीं कृत्यां ५-७

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16